आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागा

**17.04.2025 @ 7.20 pm**

नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात आरोप पत्र दाखल केल्या फांटभुयेंर कॉंग्रेस पक्षान देशभर अंमलबाजवणी संचालनालया सामकार आंदोलन सुरु केल्या कृतीचो भारतीय जनता पार्टीन निशेध केला

गोवा कोयर वेवस्थापन म्हामंडळ **23** एप्रीलाक वेगवेगळ्या खात्यांतल्या **142** पोरण्या वाहनांची पावणी करतले

पुरूष नाटका वेळार कला अकादमीत आईली आडमेळ लायटीच्या तंत्रीक बिघाडा खातीर हे स्पश्ट जाला अशी म्हायती गोविंद गावडे हांणी पत्रकार परीशदेत दील्या.

राज्यात फुडले सात दिस हवामान वताळ आनी रखरखित आसतले अशे वेधशाळेन कळीत केला

-------------

नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात पयशे लुटपाचो आरोपा वेल्यान कॉंग्रेस पक्षाची अध्यक्षा सोनिया गांधी आनी फुडारी राहुल गांधी हांचे आड आरोप पत्र दाखल केला. हे फांटभुयेंर कॉंग्रेस पक्षान सध्या देशभर अंमलबाजवणी संचालनालया सामकार आंदोलन करप सुरु केल्या कृतीचो भारतीय जनता पार्टीन निशेध केला. आयज भाजप मुख्यालयात घेतिल्या पत्रकार परीशदेत गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी काल गोंय कॉंग्रेस प्रदेश समितीन गोंयच्या अंमलबजावणी संचालनालया सामकार केल्या आंदोलनाचो निशेध केला. तशेंच नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात कॉंग्रेस कशी घुसपिल्ली आसा ताची म्हायती लोकांक पत्रका वाटुन करतले अशे म्हणला. गुन्हायवकारी विशयाचे लोकांची दिशाभुल करपाक कॉंग्रेस राजकारण करता असोय आरोप तांणी केला. Byte

गोवा कोयर वेवस्थापन म्हामंडळ 23 एप्रीलाक वेगवेगळ्या खात्यांतल्या 142 पोरण्या वाहनांची पावणी करतले. पर्वरे पुलिस क्वार्टसा लागसार सकाळी 10 वराचेर ही पावणी गाडयो आसा त्या परीस्थितीन विकपाच्या तत्वाचेंर जातली. 15 वर्सां सकयल्यो 14 गाडयो आनी 15 वर्सा वयल्यो 128 गाडयो स्क्रेपाक ह्या पावणेत विकतले. स्क्रेप वेवसायिक नोंदणीकृत आसप गरजेचे अशे गोवा कोयर वेवस्थापन म्हामंडळान कळीत केला. ह्या पयली मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी अशा गाडयांचो लिलाव करपाचो निर्णय जाला अशी म्हायीती दिल्ली. उत्तर आनी दक्षीण गोयात मेळुन सुमार 250 अश्यो गाडयो आसाता, ताकालागुन पर्वरे, म्हापसा आनी मडगाव गाडयाचो लिलाव जातलो अशे मुख्यमंत्रयान सांगिल्ले.

13 एप्रीलाक पुरूष नाटका वेळार कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात लायटीच्या तंत्रीक बिघाडा खातीर आडमेळ आयल्या हे वीशी आपणे कला अकादमीच्या सदस्य सचीवा कडल्यान दोन दीसा भितर अहवाल मागयील्लो,लायटीगांची चांचणी केल्या उपरांत LED लायटीत तंत्रीक बिघाड जाल्याचे स्पश्ट जाला अशी म्हायती गोविंद गावडे हांणी आयज कला अकादमीत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार दील्या. कला अकादमीची लायटींग वेवस्था सध्या defect liablity period चेर आसा.ताका लागुन भौशीक बांधकाम खात्यान हो तंत्रीक बिघाड दुरूस्त करचो असो आदेश दीला.हे शीवाय फुडारात असो प्रस्नuprascho न्ही म्हण पर्यायी tungsten philament lighting वेवस्था दवरपाचो निर्णय घेतला अशे गोविंद गावडे हांणी म्हणला.

गोवा वेल्हा, सांत इनेज, पणजी तशेच तिसवाडीं वाठारात खाणाचे जीन्नस वीकपी आस्थापनांक अन्न आनी वखदां प्रशासनान आयज आकस्मीक भेट दीवन पळोवणी केली.अधीकाऱ्यांच्या ह्या पंगडान 12 सुवतींची तपासणी केली.ह्यावेळार पणजे 18 जून रस्त्या कुशीकच्या एका हॉटेलांत तशेच सांत इनेज आनी गोवा वेल्हा हांगा आशील्ल्या होटेलाची तपासणी अधीकाऱ्याच्या पंगडान केली.जाल्यार नितळ नाशील्ल्या पाच रांदच्या कुडीचे काम स्थगीत करपाचो आदेश अन्न आनी वखदा प्रशासनाच्या अधीकाऱ्यांनी दीला. ते भायर तीन विक्रेत्यांक अन्न आनी वखदा

प्रशासनाचे नेमाक पाळो दिवूक नाशिले खातीर प्रत्येकी 11,000 इतलो दंड घाला. अन्न आनी वखदा प्रशासनाचे नेम पाळ नाशिल्या वेवसायीकांआड खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी ह्यावेळार मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दील्या.

गुड फ्रायडे च्या फाटभुयेर आज पवित्र बरस्तार जाका मौनडी बरेसतार म्हणतात ह्या निमतान पंजेतल्या मेरी इमे कुलेत इगर्जेत सेवा प्रार्थना आयोजित केलली

भारत सरकारच्या वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान स्थापन केल्ल्या भारतीय गुणवत्ता मंडळान ३ रें ऑनलाइन गिमाळी क्वालिटी फन शिबीर घडोवन हाडलां. ह्या गिमाळी शिबीराची ऑनलाइन नोंदणी १५ एप्रिल ते २० जुलै मेरेन चालू आसा आनी ताचो लाव राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांनी घेवचो अशे आवाहन गोंय शालांत मंडळान केला. भारतीय गुणवत्ता महामंडळ ही स्वायत्त संस्था राष्ट्रीय मोहिम आनी उपक्रमां वरवीं भारतभर गुणवत्ता संस्कृताय वाडोवपा खातीर वावर करता. विकसित भारत २०४७ सपन साकार करपा खातीर भुरग्यांनी-भारताच्या फुडाराच्या निर्णय घेवपाक गुणवत्तेचीं तत्वां रुजोवप गरजेचें उद्देशान, हे वर्सुकी "गुणवत्ता गिमाळी शिबिर आयोजीत केला. १८ वर्सां मेरेन पिराय गटाच्या भूरग्याखातीर ही देश पांवड्यावेली ऑनलायन सर्त परस्पर संवाद, आव्हानां स्वीकारप, सृजनशीलताय, कुशळटाय आनी दिसपट्ट्या जिणेंत दर्ज्याचें म्हत्व बळीष्ट करता. "गुणवत्ता चॅम्पियन: ल्हान पावलां, व्हड परिणाम," ह्या संकल्पनेखाला ओंदूच्यो सर्ती जातल्यो. राज्यभरांतल्या विद्यार्थ्यांक ही संद मेळची म्हूण शाळा मुखेल्यांनी आपल्या विद्यार्थ्यांक ह्या ऑनलायन सर्ती विशी म्हायती दीवची अशे गोंय शालांत मंडळान मांगला.

फोंडेंच्या गोमन्तक संत मंडळच्या किर्तन विद्यालयान सांखळे आयोजित केल्ल्या निवासी किर्तन प्रशिक्षण शिबिरीचे उक्तावण फाल्या मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी सांखळेच्या शिवस्मृती खेडेकर सभाघरात सांजे ५ वरांचेर जातले. सांखळी सम्राट क्लबाच्या पालवान जावपी हे निवासी किर्तन प्रशिक्षण शिबिर १८ एप्रिलते २० एप्रिल अशें ३ दिस चलतले. फाल्याच्या सुवाळ्यांक मुखेलमंत्री डॉ.

प्रमोद सावंत हांचे सयत पत्रकार सागर जावडेकर, प्रवीण सबनीस, अध्यक्ष सम्राट क्लब इंटरनॅशनल आनी चित्रकार शिवानंद खेडेकर हाजीर रावतले. सुहासबुवा वझे ह्या शिबीराचे संचालन करतले अशें किर्तन शिबिर संयोजिक शुभदा सावईकर हांणी कळीत केलां.

भारतीय जनता पार्टीच्या युवा मोर्चान आयज पणजे नॅशनल हेराल्ड प्रकरणात कॉग्रेस फुडाऱ्यांचो आसपाव आशिल्याखातीर ह्या फुडाऱ्यांचो निशेध करपी मोर्चा काडलो. ह्यावेळार कॉग्रेसीचे फुडारी राहुल गांधी हांचो पुतळो पणजे कॅाग्रेस हावसा सामकार आशिल्लया रस्त्याचेर लासलो. कॉग्रेस हो घोटाळेबाज आनी भ्रस्टाचारी पक्ष असो आरोप भाजपाच्या कार्यकत्यांनी केला. 2012 वर्सा जाल्ले नॅशनल हेराल्ड प्रकरणत मनी लोड्रींग, तशेच इनकम टॅक्स चुकोवप, तशेंच मालमत्ता हडप करपाचो गैरवापर आशिल्याचो आरोप युवा मोर्चाचे अध्यक्ष समीर मांद्रेकार हांणी केला. ह्यावेळार सिदार्थ कुंकळ्येकार, सिद्धेश नायक, बाप्पा कराडे, तशेंच भाजप युवा मोर्चाचे कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशिलले.

फाटल्या स वर्सात 1300 परस चड जणांक रस्तो अपघातांक लागुन मरण आयला. हांतुल्ले चडशे तरनाटे आसात असो हुस्को करून विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंय सरकाराक अपघाताचो प्रस्न सुटावो करपाक अपयेस आयला, सरकाराक लोकांच्या जीवांचे पडुन गेल्ले ना असो आरोप केला. सरकारान जॅट पॅचर मशिनावरवी रस्त्याचेर आशिल्ली फोंणकुला भरतले अशे म्हणील्ले. मात ही फोंणकुला आजुनुय आसा तसीच आसाता, ताकाच लागुन अपघात वाडल्यात, जाल्यार जॅट पॅचराची सेवा ज्या रसत्याचेर जाय ती सांगपाक सरकारान चालीक लायिल्लो भैशिक वोटस् ॲप नंबर लेगीत बंद आसा अशे युरी आलेमाव हांणी म्हणला. 2023 वर्सा केंद्रिय रस्तो येरादीारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी अपघाता जावपी ब्लॅक स्पोट काडुन उडोवपाखातीर 100 कोटी रुपयाचो निधी जाहिर केल्लो. हो निधी सरकाराक मेल्ळो काय ना, ताचो उपेग सराकरान केला काय ना असोय प्रस्न युरीन सरकाराक केला.

DIP

गोंय विद्यापीठान विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन संचालनालय, गोंय सरकार पुरस्कृत 'शाश्वत सेंद्रिय तांदूळ उत्पादना खातीर खाजन शेत जमनीचेर सायनो बॅक्टेरियल जैव खतांचो परिणाम' ह्या विशयावेल्याब संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक संशोधन वांगडी पदाच्या सुवाते खातीर अर्ज मागयल्यात.

तापमान

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण गोयात कमाल तापमान**34** ते 35 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **27** डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता **70 %** नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस **34-35** डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले सात दिस हवामान वताळ आनी रखरखित आसतले अशे वेधशाळेन कळीत केला

नमस्कार